०६-०१-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

मंडळ अध्यक्ष निवड - 150

भारतीय जनता पक्षाच्या संघटणात्मक वेंचणुकेचो भाग म्हूण मंडळ अध्यक्षांची निवड सुरू आसा. 7 जानेवारी मेरेन मंडळ अध्यक्षांची निवड पुराय जातली. फेब्रुवारीत नव्या प्रदेश अध्यक्षांची निवड जातली, अशी म्हायती प्रदेश भाजप अध्यक्ष सदानंद शेट तानावडे हांणी दिली.आयतारा पणजे, कुंभारजुवा, पर्वरी, पर्ये, वाळपय मतदारसंघाच्या मंडळ अध्यक्षांची निवड जाली. शनवारा फातोर्डा, मुरगाव मंडळ अध्यक्षांची निवड जाली. मंडळ अध्यक्षांच्या निवडीक लागून मंत्री, भाजपाचे आमदार आनी कार्यकर्ते आयतारा व्यस्त आशिल्ले. कुंभारजुवे मंडळ अध्यक्षपदार योगेश पिळगावकार, पर्ये मंडळ अध्यक्ष म्हूण श्रीपाद गावस, वाळपय मंडळ अध्यक्ष म्हूण रामा खरवत, शिवोले भाजप मंडळ अध्यक्ष म्हूण मोहित चोपडेकार, पणजी मंडळ अध्यक्ष म्हूण पुंडलीक शेट्ये हांची आयज निवड जाली. मंडळ अध्यक्षांची निवड जाल्या उपरांत जिल्हो अध्यक्षांची निवड जातली. फेब्रुवारीत नव्या प्रदेश अध्यक्षांची निवड जातली. प्रदेश अध्यक्ष पदाखातीर दामू नायक, चंद्रकांत कवळेकार, नरेंद्र सावयकार, आदले मंत्री दयानंद मांद्रेकार, दिलीप परूळेकार, दयानंद सोपटे हांची नावा केंद्रीय फुडाऱ्यांकडेन धाडल्या, अशी म्हायती प्रदेश अध्यक्ष सदानंद शेट तानवाडे हांणी दिली.

गोवा मेडिकल कावंन्सील 85

गोंय वैजकी मंडळान एक अधिसुचोवणी जारी केल्या. तांचे कडेन संबंदीत आशिल्ल्या सगळ्या दोतोरांक तांच्या परवान्यांचें ३० दिसां भितर नुतनीकरण

करपाचे आदेश दिल्यात. जांच्या परवान्यांची मुजत ३१ डिसेंबर २०२४ दिसा सोंपल्या अश्या दोतोरांक परवान्याचें नुतनीकरण करचें पडटलें. गोवा मेडिकल कावंन्सीलाच्या रजिस्ट्रारान जारी केल्ले अधिसुचवणे प्रमाण, दिल्ल्या वेळा भितर दोतोर आपल्या मुजत सोंपिल्ल्या परवान्यांचें नुतनीकरण करपाक अपेशी थारल्यार तांची नोंदणी रद्द करतले. गोवा मेडिकल कावन्सील कायदो, १९९१ चे कलम २३ आनी नेम ६१ तशेंच ३१ डिसेंबर दिसा जाल्ले कावन्सीलचे बसकेंत मंजूर जाल्ल्या थारावा प्रमाण ही कारवाय जातली.

चतुरंग - १३०

नर्मदालय' संस्थेच्या संस्थापिका विशुद्धानंदा भारती ठाकूर हांच्या समाज कार्यातल्यान आमी सगळ्यांनी प्रेरणा घेवंची अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केले. नर्मदा न्हयेंच्या वाठारांत रावपी भुरग्यांनी शाळेंत वचून शिंकचे म्हूण भारती ठाकूर हांणी केल्लो वावर तांच्या निःसुवार्थ कार्याची वळख करून दिता अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले. चतुरंग प्रतिष्ठान ह्या संस्थेचे ३३ सावे चतुरंग रंगसमेलनात भारती ठाकूर हांका जीणे गौरव पुरस्कारान भोवमानीत करतकच ते उलयताले. फोंडेंच्या राजीव गांधी कला मंदिरात काल सांजे जाल्ल्या ह्या सुवाळ्याक नामनेचे शास्त्रज्ञ रघुनाथ माशेलकर , पुरस्कार निवड समितीचे वांगडी प्रा. विनय सहस्त्रबुद्धे , येवकार अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपे हाजीर आशिल्ले. ह्या चतुरंगी सुवाळ्यात 'अर्घ्य' ही शर्वरी जमेनीस आनी सह कलाकारांची नृत्याची कार्यावळ जाली उपरांत 'अद्वैता' - 'सात यात्री एक यात्रा' ही गायिका देवकी पंडीत आनी कवी वैभव जोशी हांची जोड कार्यावळ रसीकांक अणभवपाक मेळळी.

शेकोटी साहित्य संमेलन - १३०

बरें साहित्य तयार जातले जाल्यार नव्या साहित्यीकांनी नामनेच्या लेखकांचे साहित्य वाचपाची आनी अभ्यासपाची गरज आसा अशें वीजमंत्री सुदिन ढवळीकर

हांणी सांगलें. ह्या तांत्रिक युगात भाषा समृद्‌ध करपाक तरनाटी पिळगी मुखार येवपाची गरज आसा अशेंय तांणी सांगलें. काल सांजे कोंकण मराठी परिशदेच्या १९ साव्या शेकोटी साहित्य संमेलनाचे उक्तावण करतकच ते उलयताले. फोंडेंच्या नागेश महारुद्र संस्थान प्राकारात हे दोन दिसांचे संमेलन सुरू जालां. नामनेचे साहित्यीक ' नदीष्टकार ' प्रा. मनोज बोरगावकर हांणी ह्या संमेलनाची येजमानकी चलयली. नदिष्ट कादंबरी पुराय जिणेच्या अणभवार बरयल्या आनी हे करताना आमचे पारंपारीक गिन्यान दिसान दिस उणे जाता आशिल्ल्याचे जाणवले अशें प्रा. बोरगांवकार हांणी आपल्या अध्यक्षीय उलोवपात सांगलें. दोन दिसांच्या ह्या शेकोटी साहित्य समेलनांत काल सांजे ' जयवंत दळवी हांच्या साहित्याचेर समग्र चर्चा ' ह्या विशयाचेर जाल्ल्या परिसंवादात प्रा. विनय बापट, ॲड. नार्वेकर आनी प्रा. कृष्णाजी कुलकर्णी वांटेकार जाले.